# नाताला निमतान राज्य पांवड्याचेर गोठो सजावट सर्तीचे आयोजन

ता. 1 डिसेंबर 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमतान संस्थां/पंगड आनी वैयक्तीक/घरगुती अशा दोन गटांखातीर 26 डिसेंबर 2025 ते 2 जानेवारी 2026 मेरेन राज्य पावंड्याचेर गोठो सजावट सर्तीचे आयोजन केला. गोंयांत गोठो सजावटीची परंपरा तिगोवन दवरपा खातीर दर वर्सा खात्यावतीन अशी सर्त आयोजीत करपात येता.

संस्थां/पंगड गट सर्तीखातीर पयले 40,000/- रूपयां, दुसरे 35,000/- रूपया आनी तिसरे 30,000/- रूपया, चौथे 25,000/- रूपया आनी पाचवें 20,000/- रूपयांचे इनाम आसतले. तशेंच उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 15,000/- रूपयांची पाच इनामां आसतली.

वैयक्तीक/घरगुती गटाखातीर पयले 25,000/- रूपया, दुसरे 20,000/- रूपया, तिसरे 15,000/- रूपया, चौथे 12,000/- रूपया आनी पाचवे 10,000/- रूपयांचे इनाम आसतले. तशेंच उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 7,000/- रूपयांची पाच इनामां आसतली.

सर्तीचे अर्ज 4 डिसेंबर 2025 सावन कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन , पाटो पणजी, रवींद्र भवन, मडगांव, रवींद्र भवन, कुडचडे, रवींद्र भवन, बायणा वास्को, रवींद्र भवन, सांखळी, रवींद्र भवन, काणकोण आनी राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडा हांगा उपलब्ध आसतले. तशेंच खात्याच्या www.artandculture.goa.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्ले अर्ज 18 डिसेंबर 2025 मेरेन कार्यालयीन वेळेंत सुपूर्द करपाक जाय. उसरा आयिल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/910

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.